**<u>कला आनी संस्कृती खात्याची माटोळी आनी देखावो सर्त</u>**

ता. 24 ऑगस्ट 2023

कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन दर वर्सा चवथी निमतान आयोजीत करपात येवपी राज्य पांवड्यावयली माटोळी आनी देखावो सर्त जाहीर केल्या. वैयक्तिक कुटुंबांखातीर माटोळी सजावट सर्त गणेश चतुर्थीच्या तिसऱ्या ते 6 व्या दिसा मेरेन म्हळ्यार 21 ते 24 सप्टेंबर मेरेन आयोजीत करपात येतली.

ह्या वर्सा माटोळी सर्तीखातीर पयले इनाम रू. 20,000/-, दुसरे इनाम रु. 15,000/-, तिसरे इनाम रु. 12,000/-, चौथ्ये इनाम रू. 10,000/-, आनी पाचवें इनाम रू. 8,000/- आसतले. तशेंच रु. 5,000/- ची पांच उमेद वाडोवपी इनामां दितले.

देखावो सादरीकरण सर्त फकत गोंय राज्यातल्या नोंदणी केल्ल्या भौशीक गणेश उत्सव मंडळांखातीर गणेश चतुर्थीच्या 7 व्या ते 10 व्या दिसा मेरेन म्हळ्यार 25 ते 28 सप्टेंबर मेरेन आयोजीत करपात येतली.

देखावो सर्तीखातीर पयले इनाम रू. 35,000/- , दुसरे इनाम रू. 30,000/-, तिसरे इनाम रू. 25,000/-, चौथ्ये इनाम रू. 20,000/- आनी पाचवें इनाम रू. 15,000/- आसतले. तशेंच रू. 10,000/- ची पांच उमेद वाडोवपी इनामां दितले.

ह्या सर्तीचे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन पाटो, पणजी-गोंय, रविंद्र भवन – मडगांव, रविंद्र भवन – कुडचडे, रविंद्र भवन – साखळी, रविंद्र भवन – बायणा- वास्को आनी राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा 28 ऑगस्ट सावन उपलब्ध आसतले. तशेंच अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या www.artandculture.goagov.in ह्या संकेत थळाचेरय उपलब्ध आसतले.
पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 8 सप्टेंबर 2023 मेरेन कार्यालयीन वेळेत स्वीकारले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/668

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.